**तंबाकू विरोधी दीस सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयलीं**

ता. 21 जुलय 2020

संवसारीक तंबाकू विरोधी दिसा निमतान गोंय दंत महाविद्यालय आनी इस्पितळाच्या भौशीक दंत भलायकी विभागान भलायकी सेवा संचालनालयाच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या आंतर महाविद्यालयीन रॅप बॅटल/रॅप स्टार सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयलीं. इनामां भेटोवपाची कार्यावळ 30 जून 2020 दिसा सरकारान जारी केल्ल्या कोवीड-19 च्या मार्गदर्शक तत्वांचे पालन करून गोंय दंत महाविद्यालय आनी इस्पितळात जाली.

"उद्वेग फसवणूकी पसून युवकांक संरक्षण आनी तांकां तंबाकू आनी घुंवळी वखदांच्या वापरा पसून प्रतिबंद करप" असो सर्तीचो विशय आशिल्लो. इनामां फावो जाल्ले रॅप व्हिडिओ समाजामदी आनी खास करून तरणाट्यांमदी तंबाकू वापराआड जागृताय करपा खातीर वापरतले.

सर्तीचे पयले इनाम अंजूम कादर बागवान, दुसरे इनाम रत्नेश रामनाथ शिरोडकर आनी तिसरे इनाम अमोग अशोक बुदे आनी वरद वसंत धारगळकर हांका फावो जाले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/403

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA